# मुख्यमंत्र्यांच्या हस्तुकीं मये आनी दिवचल मतदारसंघात "म्हजे घर येवजणेचे अर्ज" वाटप सुरू

ता. 13 ऑक्टोबर 2025

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी म्हजे घर येवजणे अंतर्गत अर्जांचे वाटप ही सरकाराची इतिहासिक जमीन/घरनिर्माण सुधारणा येवजण आशिल्ल्याचें सांगून लोकांनी ह्या येवजणेचो लाव घेवपाचे आवाहन केले.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज मये आनी दिवचल मतदारसंघात "म्हजे घर येवजण' जागरूकताय आनी अर्ज वाटप मोहिमेचो शुभारंभ केलो.

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा हांणी हालीच गोंय सरकारच्या 'म्हजे घर' येवजणेचो शुभारंभ केलो. गोंयच्या वाठारांत अनेक वर्सां फाटी बांदलेली घरां कायदेशीर करून घरमालकांक मालकी हक्क दिवप हो येवजणेचो उद्देश आसा.

अर्ज वाटप कार्यक्रम मये ग्रामपंचायत, वायंगिणी आनी दिवचले छत्रपती शिवाजी महाराज सरकारी प्राथमिक शाळेत आयोजीत केल्लो.

ह्या वेळार राज्यसभा सदस्य श्री सदानंद शेट तानावडे, आमदार आनी गोंय बागायत महामंडळाचे अध्यक्ष श्री प्रेमेंद्र शेट, मयेचे सरपंच श्री वासुदेव गावकर, उत्तर गोंय जिल्हा पंचायतीचे अध्यक्ष श्री धाकू मडकईकर, जि.पं. सदस्य श्री शंकर चोडणकर, जि.प. सदस्य श्री. महेश सावंत, जिल्हाधिकारी श्री. अंकीत यादव, उपजिल्हाधिकारी श्री नेहल तळावणेकर, मामलेदार श्री शैलेंद्र देसाय आनी हेर अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

म्हजे घर येवजणेक लागून गावांतले वाद कमी जावपाक मजत जातली अशें सांगून येवजणेचे अर्ज रोखडेच सगळ्यों आनी उपजिल्हाधिकारी कार्यालयांनी उपलब्ध करतले, अशें सांगलें.

मुख्यमंत्र्यांन येवजणेची सविस्तर म्हायती दिली आनी लोकांनी उपस्थित केल्ल्या प्रश्नांची उत्तरां दिली. कार्यक्रमस्थळार णव प्रकारचे विविध अर्ज उपलब्ध केल्ले. अर्जदारांक घर दुरुस्ती प्रमाणपत्र तीन दिवसांत आनी घर वेगळे करपाचे प्रमाणपत्र सात दिवसांत दितले, अशेंय मुख्यमंत्र्यांन सांगलें.

ह्या वेळार उलयतना सदानंद शेट तानावडे हांणी मुख्यमंत्र्यांचे अभिनंदन केले आनी जमीन महसूल सुदारणांक लागून गोंयकारांक सुरक्षा आनी स्थैर्य मेळटले अशें सांगून ह्या येवजणेचो लाव घेवपा खातीर आवश्यक सोपस्कार पुर्ण करपाचे आवाहन केले.

श्री प्रेमेंद्र शेट हांणी जमीन आनी घरनिर्माण सुधारणांक लागून खास करून शेतकांर आनी गरीब लोकांक फायदो जातलो अशें सांगलें आनी ही येवजण सुरू केल्लें खातीर मुख्यमंत्र्यांचे उपकार मानले.

दिवचले अर्ज वाटप कार्यक्रमाक आमदार डॉ.चंद्रकांत शेट्ये, नगराध्यक्ष श्री.विजयकुमार नाटेकर, उपनगराध्यक्ष, श्रीमती दीपा पळ, उत्तर गोंय जिल्हा पंचायतीचे अध्यक्ष श्री धाकू मडकईकर, जि.प. सदस्य श्री प्रदीप रेवोडकर आनी हेर नगरसेवक उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/811

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.